# खूब पावस पडपी दर्यादेग वाठारां खातीर सुदारीत पुसा बिन

Extension Leaflet No. - 8/2020





**Figure 1: Pusa Bin**

हेर पारंपारीक सांठवण करपाच्या बांदकामां सारकेंच पुसा बिन आनी तें सादारणपणान मातयेचें बांदतात. खूब पावस पडपी दर्यादेग वाठारां खातीर आमी कच्च्या मातयेची वीट बदलून लेटरायट फातर वा भाजिल्लो वीट घाल्यात. वलसाण मुक्त करूंक ताच्या मदीं प्लास्टीक फिल्म आसता.

**सकयल सुदारीत पुसा बिन तयार करपाची क्रमवार प्रक्रिया दिल्याः**

1) भाजिल्ली वीट वा समान तरेन कापिल्लया लेटरायट फातरांची एक माची तयार करतात.



2) ह्या माचयेर 700 प्रमाणाचे प्लास्टीक पुराय माचयेर 6 मिटर वाठारांत धांपून वतलें अशे तरेन एकार एक पातळयतात.

3) ह्या प्लास्टीक चादरीचेर 7 सॅण्टीमिटर दाट वीट वा कापिल्लया फातरांचो थर पातळायतात.

4) विटो वा फातर वापरून वणटी तयार करतात आनी त्यो माती वा शिमिटाचो प्लास्टर घालून घट्ट करतात.







5) आतां, वणटी फावो त्या उंचायेर उबारतात आनी ताचेर लांकडाची फास्की बसयतात.

6) ह्या बांदकामाचें वयलें पांखें भाजिल्लया विटां पसून करतात.



1) धान्य देंवोवपा खातीर, गुरुत्वमध्याकर्शणाक लागून त्या बांदकामांतल्यान धान्य भायर सरतलें अशे तरेन एक लांकडाचे वा स्टीलाचें पायप बसयतात.

2) पायपाचे तोंड धांपणे लावन बंद करतात.


3) चारूय वणटी तशेंच पांखें प्लास्टीक चादरान धांपतात.

4) वयल्या भागांत, 50 ु 50 सॅण्टीमिटराची उकती सुवात धान्य देंवोवपा खातीर सोडटात.

5) ही उकती सुवात सोडल्यार हेर भाग माती वा शिमिटान बंद करतात.

6) बिन धान्यान भरले उपरांत, वयली उकती सुवात बिनांत वारो वच्चो न्हय म्हणून प्लास्टीक चादरीन घट्ट धांपतात.

सर्वसादारण पणान पुसा बिन कशें दिसता तें चित्र 1 हातूंत दाखयलां. क्रोस विभागी देखाव चित्र 2 हातूंत दाखयला. खूब पावस पडपी दर्यादिग वाठारांत घटसाण मेळचे खातीर कच्च्या मातयेची वीट बदलून लेटरायट फातर वा भाजिल्लो वीट घाल्यात आनी ताच्या भायल्या आनी भितरल्या वणटींचेर शिमिटाचो थर मारला. पावसा पसून सुरक्षीत आशिल्लया भागांत बांदकाम केलें जाल्यार भायल्या आनी भितरल्या वणटींचेर मातयेचो थर काडपाक जाता आनी खर्च कमी करूं येता.




चित्र 2: पुसा बिनाचो क्रोस विभागी देखाव

आकलन शक्त 0.5-4.0 टन LXBXH : 610-1720X610-1520X1360-1600 (mm)

संदर्भ : बुहोल्ट आनी दियोप, 1987

**उपकार :** गोंयांतल्या शेती पिकां खातीर उपरांतचे बर्या लुंवणी वेवस्थापन पद्दतींचो प्रसार ह्या प्रकल्पा खातीर नाबार्ड संस्थेन दिल्लें अर्थीक सहाय्या खातीर (NB.Goa/906/FSDD/2017-18/FSPF) तांचे उपकारी आसात.

NABARD
NATIONAL BANK FOR AGRICULTURE AND RURAL DEVELOPMENT

**साहित्य तयार करपी–**
डॉ. मथला जुलिएट गुप्ता, वरिष्ठ विज्ञानीक (शेती रचणूक आनी प्रक्रिया अभियांत्रिकी)
डॉ. मरुदुरय आर., विज्ञानीक (शेती कीटकशास्त्र)
आनी अभियंतो किरण बाबलो खराट, युवा वेवसायीक-ख

**प्रकाशीत करपी–**
डॉ. इ. बी. चाकुरकर,
संचालक, आय.सी.ए.आर.-सी.सी.ए.आर.आय.

म्हायती खातीर संपर्क करचो –
**संचालक**
फोन : 0832-2284677/78/79 (कार्यालय)
फॅक्स : 0832 2285649
ईमेल : director.ccariicar.gov.in
संकेतथळ : www.ccari.res.in

कोंकणींत अणकार करपी : अन्वेषा सिंगबाळ